# बेकायदेशीर रेंव उत्खननाचेर नदर दवरूंक हॅल्पलायन सेवा

पणजी, २० सप्टेंबर, २०१८

भाद्रपद २९, १९४०

उत्तर गोंय जिल्लोधिकाऱ्यांनी बेकायदेशीर रेंव उत्खनना संदर्भांतल्या कागाळींचें निवारण करपा खातीर उत्तर गोंय जिल्लोधिकारी कार्यालयांत हॅल्पलायन सेवा सुरू केल्या.

हो विशेश नियंत्रण कक्ष उत्तर गोंय जिल्लोधिकारी कार्यालय, पयलो माळो हांगा स्थापन केला. २२२५३८३ / २२२५०८३ हे हॅल्पलायन क्रमांक आसात. आपत्कालीन वेवस्थापना खातीर स्थापन केल्ली ही हॅल्पलायन सेवा आतां रेंव उत्खनना संबंदी कागाळीं खातीर उपलब्ध आसतली.

राज्य सरकारा वरवीं रेंव उत्खननाचेर नदर दवरूंक मुंबय उच्च न्यायालयान जारी केल्ल्या आदेशाच्या फाटभुंयेर ही हॅल्पलायन सेवा सुरू केल्या.

मा/वाप/टीएसएस/जॉआ/स्नेस/फ्रारि/२०१८/१५५८